National 6:30 9 June 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचा फुडारपणाखालच्या सरकारान , कामगीरी चे राजकारण हाडून, देशाक जापसालदार आणि प्रतिसाद दिवपी सरकार दिऊन, देशाची राजकिय संस्कृताय बदलल्या, अशे केंद्रीय मंत्री यांनी भाजपाचे अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हाणी म्हळे. मोदी सारकारान इकरा वारसा पुराय केल्या निमतान भाजपा अध्यक्ष नड्डा नवी दिल्लीतल्या एका पत्रकार परिषदेत उलयताले. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या मुखेल पणाखाल चे सरकार धाड़सी निर्णय घेवपी प्रभावी सरकारां आसा. अशे ताणी मुखार म्हळे . हे सरकार जनतेच्या चा फुडारपणाखालचे आसून पारदर्शक तायेचो एक नवो मानक ताणी स्थापन केला, तेचपरी फाटले अकरा वरसांत मोदी सरकारान विकसित भारताची बुनियाद रचल्या अशेय भाजपा अध्यक्ष जेपी नड्डा हाणी मुखार म्हळे .

उत्तराखंडांतल्या गढ़वालांतल्या अग्रेसर वाठारांनी तैनात केल्ल्या सैन्याच्या कार्यकारी आनी प्रशासकीय तयारीचो नियाळ घेवपा खातीर लश्करी मुखेली जनरल उपेंद्र द्विवेदी हांणी आयज गढ़वाल वाठारांतल्या अग्रेसर पोस्टांक भेट दिली.

आपल्या भेटी वेळार लश्करी मुखेल्यान शिमेचेर राखण करपी सैन्या कडेन संवाद सादलो आनी तांच्या अखंड समर्पण, लवचीकपण आनी वेवसायीकपणाची तोखणाय केली. कार्यकारी तयारी आनी सतत जागृताय हांचे उंचेले दर्जे दवरपाचें म्हत्व तांणी सांगलें.

तशेंच जनरल द्विवेदीन ज्योतिर्मथांत आशिल्लें पयलै कम्युनिटी रेडिओ स्टेशन आयबेक्स तराना 88.4 एफएमचें उक्तावण केलें. थळाव्या अभिव्यक्ती खातीर, गिन्यानाची वांटणी आनी संस्कृतीक दायज सांबाळपा खातीर हे स्टेशन म्हळयार एक म्हत्वाचो मंच. ताच्या प्रसारणांत शिक्षण, पर्यावरण, हवामान, मनरिजवण, रोजगार, आपत्ती तयारी, पर्यटन, भलायकी, आनी पारंपारीक कला हांचे विशीं कार्यावळी आसतल्यो.

आयबेक्स ताराना है फकत रेडिओ केंद्र न्हय तर तरणाट्यांचो आवाज वाडोवपाचें एक बळिश्ट माध्यम अशें लश्करी मुखेल्यान आपल्या उत्तावण पॉडकास्टांत सांगलें. ताका लागून समाजाक एकठांय हाडटले, थळाव्या प्रतिभेक चालना मेळटली आनी लोकांक तांच्या सांस्कृतीक मुळां कडेन परतून जोडटले अशें तांणी सांगलें. तशेंच राष्ट्र निर्मिती आनी समाजीक उदरगतींत तांणी केल्ल्या उत्कृश्ट योगदानाची वळख करून ताणें नामनेच्या दिग्गजांक वेटरन्स अचीवमेंट पुरस्कार दिवन तांकां भोवमान केलो

शाराचे पर्यावरण सुदारपा खातीर दिल्ली सरकारान ह्या हंगामांत 70 लाख झाडां रोवपाचें लक्ष्य थारायलां अशें दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुला हांणी सांगलें. एक पेड माँ के नामाच्या फुडाकारान दिल्लीची मुख्यमंत्री रेखा गुप्तान आयज नवी दिल्लीच्या शालीमार बाग हांगाच्या सरकारी शाळेत आपल्या आवयच्या उगडासाक सिंदूर प्लांट लायलो. 'एक पेड माँ के नाम' ह्या दुसऱ्या माळेत दिल्ली शिक्षण खातें आनी शाळा वांटो घेतात अशें सुश्री गुप्तान सांगलें. आदल्या सरकारान दिल्ली सरकाराच्या प्लॅटफॉर्मातल्यान हो प्रकल्प केन्नाच मुखार व्हरूंक ना असो आरोप तिणें केला.

स्वातंत्र्य संघर्शाच्या व्हड नायक भगवान बिरसा मुंडा हांका आयज ताच्या शहीद दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी श्रद्धांजली दिल्या. भगवान बिरसा मुंडान आदिवासी भाव-भयणींच्या कल्याणा खातीर आनी तांच्या हक्कांची राखण करपा खातीर आपलें जिवीत ऑपलें अशें तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां. तांचो त्याग आनी भक्ती देशांतल्या लोकांक प्रेरणा दितली अशें श्री मोदी हांणी सांगलें.

मोदी सरकारच्या कार्यकाळात अच्छे दिन आयाल्यात. आज गोय आणि केंद्र सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय तत्वाचेर  लोकांचे काम करता आणि चालता, स्वच्छ भारत अभियान बरोबरच स्वस्थ भारत अभियान देशात सुरू आसा. गोय सरकार बऱ्यात बरे साधन सुविधा दिवपक यशस्वी जाल्या. नारीशक्ती, हर घर जल, ग्रामीण विकास योजना, स्टार्टअप मिशन, डिजीटल इंडिया अश्यो जयत्यो  केंद्र सरकारच्यो योवजण गोयात बेस बऱ्या तरेन सुरू आसात.

गोय राज्य पूर्णपणान स्वयंपूर्ण जावचे म्हूण सरकार काम करीत आसा. त्या खातीर सरकारनं विविध यावजण्यो चालिक लायल्यात अशें मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हानी म्हळे.

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय सरकारा वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ आज  राजीव गांधी कला मंदिर फोंडया हांगा  आयोजित केलली. ह्या वेळार जाल्या कर्यावलित मुखेल सोयरे म्हूण मुखेल मंत्री डॉ प्रमोद सावंत  तर मानाचे सोयरे म्हूण केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक हाजिर आशील्ले. मुखार् उलयतना मुख्य मंत्री डॉ प्रमोद सावंत हानी गोवा सरकार नारीशक्ती,युवा शक्ती, किसान शक्ती आणि गरिबकल्याण  ह्या तत्वचेर काम करता अशें म्हळे.